०८-०१-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो :

विमा सखी येवजण - २५०

बायलांचे सक्षमीकरण करून तांकां स्वयंपूर्ण करपाचो सरकारचो यत्न आसा अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगले काल स्वयंपूर्ण गोंय 2.0 उपक्रमा खाला विमा सखी येवजणेचो शुभारंभ केले उपरांत ते उलयताले.

गोंय सरकाराच्या नियोजन, सांख्यिकी आनी मुल्ल्यांकन संचालनालयान जीवनविमा महामंडळाच्या सहकार्यान दरबार हॉल, राजभवन दोनापावला हांगा ह्या कार्यावळीचे आयोजन केल्ले.

येवजणेच्या नोंदणी मोहिमेत राज्यभरातल्या वेगवेगळ्या बचत गटांतल्या सुमार एक हजार बायलांनी वाटो घेतलो. विमा वा हेर गुंतवणुकेच्या मळार प्रमाणीक लोकांनी मुखार येवप भोव गरजेचें आसा अशें मुखेलमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांणी हेवेळार सांगले. सगळ्यां खातीर गास, सगळ्या खातीर घर, सगळ्या खातीर विमा ही सरकाराची संकल्पना आशिल्ल्याचे मुख्यमंत्र्यांनी सांगलें.

प्रधानमंत्र्यांच्या फुडल्या गोंय भेटी वेळार सुमार एक हजार विमा सखी करपाचे सरकारचे उद्दिश्ट आसा अशेंय तांणी सांगलें. ग्रामीण उपजीविका अभियानांखाला महिला बचत गटांक आपरोजगार सुरू करपाक आनी तांकां

अर्थिकनदरेन सक्षम करपा खातीर सरकारा कडल्यान चडांत चड 20 लाख रुपयांचे रीण दितात, हो महिलांच्या हिताखातीर सरकारान सुरू केल्लो आनीक एक उपक्रम आसा. महिलांनी आपलो फुडार सुरक्षित करपा खातीर अशा येवजणांचो लाव घेवन सरकारााच्या स्वयंपूर्ण गोंय अभियानााचो उद्देश पुराय करपाक मजत करची, अशेंय तांणी सांगलें.

एलआयसी गोंय विभागाच्याो वरिश्ठ विभागीय वेवस्थापक श्रीमती संगीीता परब हांणी आपल्या भाशणात केंद्र सरकाराान बायलांच्या हिताखातीर सुरू केल्ली ही येवजण आसा अशें सांगलें. भारतीय जीवनविमा म्हामंडळाकडेन विमा एजंट म्हणून नोंदणी करप हे हया येवजणेचे उद्दिष्ट आसा जे वरवीं बायला आपली उपजीविकेेचे साधन निर्माण करपाक शकता. हे येवजणेवरवी पयल्या वर्सा दर म्हयन्याक 7000 रूपया आनी 6000 रूपया स्टायपेंड मेळोवपाक शकतात. महिला एजंट म्हूण योग्यतेप्रमाण स्वतंत्रपणाान काम करपाक शकतात आनी अर्थिक बाबतीत सक्षम जावपाक शकतात, अशें सांगून तांणी बायलांक आपल्या लागीच्या एलआयसी कार्यालयांंत नोंदणी करपाचे आवाहन हेवेळार केले.

कांपालार १० ते १२ जानेवारी मेरेन एक्वा गोवा मेगा फिश फेस्टिव्हलाचें आयोजन - ८० गोंय सरकाराच्या नुस्तेंमारी संचालनालया वतीन १० ते १२ जानेवारी मेरेन कांपाल मैदानाचेर एक्वा गोवा मेगा फिश महोत्सव जातलो. हया महोत्सवांत वेगवेगळ्या जातींचें नुस्तें आनी दर्यांतल्या जिवांच्या प्रदर्शना सयत

विंगड विंगड सर्ती, खाणां- जेवणांचे स्टॉल्स, लोकनाच आनी हेर करमणुक कार्यावळी जातल्यो.

नुस्तेंमारी वेवसायिकांक सरकारी येवजण्यो आनी नुस्तेंमारी वेवसायांतल्या आधुनीक तंत्रज्ञानाची म्हायती करून दिवप. तशेंच युवकांक ह्या वेवसाया कडेन आकर्शीत करप हो एक्वा फिश महोत्सवाचो उद्देश आसा.गोंय राज्य नुस्तेमारी स्स्कृती आनी वेवसायाखातीर नामनेक पाविल्ले आसून लोकांनी महोत्सवाक भेट दिवन तो जैतीवंत करपाक सहकार्य करचे, अशें नुस्तेंमारी संचालनालयान मागलां.

पत्र लेखन सर्त - १००

भारतीय पोस्ट खात्यान २०२४-२५ वर्साखातीरची राष्ट्रीय पत्र लेखन सर्त जाहीर केल्या. 'ढाई अक्षर ' पत्र लेखन सर्त दोन पिराय गटांनी जातली. पयलो गट १८ वर्सा मेरेन पिरायेखातीर आनी दूसरो गट १८ वर्सां वयल्या पिराय गटाखातीर आसा. राज्यातल्या शाळा महाविद्यालयातल्या विद्यार्थ्यांनी ह्या सर्तीत व्हडा संख्येन वांटेकार जावंचे अशें एस. सी. आर. टी. न मांगला. डीजीटल युगात पत्र लेखनाचो आनंद आनी म्हत्व ह्या विशयाचेर चडान चड १ हजार शब्दांचे 'इनलेंड लिफाफ्याचेर ' बरयल्ले पत्र ह्या सर्तीखातीर स्विकारतले अशे कळीत केलां. ही पत्रां आपल्या शाळा महाविद्यालया वरवी ३१ जानेवारी २०२५ मुंबय पोस्ट विभाग मुंबय ४००००१ ह्या नाम्यार धाडून दिवंची अशें भारतीय पोस्ट खात्यान कळीत केलां.